**राज्यपाल 18 नोव्हेंबरांक सांखळी दौऱ्यार.**

17 नोव्हेंबर 2022

कार्तिक 26, 1944

गोंयचें राज्यपाल श्री. पी एस श्रीधरन पिल्लई तांच्या 'गोवा संपूर्ण यात्रे'चो एक भाग म्हणून 18 नोव्हेंबर 2022 ह्या दिसा दिवचल तालुक्यांतल्या सांखळी गांवची भोंवडी करतलें आनी ह्या मुख्यमंत्र्यांच्या मतदारसंघाच्या निमाण्यां भोंवडे उपरांत तांची गोंयच्या सगळ्या गांवची यात्रा पुराय जातली.

ह्या भोंवडे वेळार राज्यपाल कुडणे ग्राम पंचायत, श्री रुद्रेश्वर देउळ, हरवळे हांगा भेट दिवन प्रार्थना आनी दर्शन करतले आनी ते उपरांत रवींद्र भवन सांखळीं हांगा हरवळे, कुडणे, नावेली, पाळीं-कोठम्बीं, वेळगे, आमोण्या आनी सुरला ह्या ग्रामपंचायतींच्या सरपंच आनी सदस्यां कडेन बैठक आनी संवादात सहभागी जातले आनी उपरांत सुर्ला मशीद, पाळीं-कोठम्बीं हांगा भेट दिवन भोंवडी सोंपयतले.

DI/NB/SAG/RM/UH/2022/1137

Issued by

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji